# गोंय विद्यापीठान संशोधन वांगडी, संशोधन सहाय्यक आनी फिल्ड इन्वेस्टिगेटर पदांखातीर अर्ज मागयल्यात

ता. 24 जानेवारी 2025

गोंय विद्यापीठान ICSSR, नवी दिल्ली हांणी विकसीत भारत-2027 येवजणे खाला पुरस्कृत "Enhancing Renal Health: Exploring Environmental Factors and Socio-economic Determinants in Goa" ह्या विशया वयल्या संशोधन प्रकल्पाचेर काम करपाक एक संशोधन वांगडी, एक संशोधन सहाय्यक आनी एक फिल्ड इन्वेस्टिगेटर पदाच्या सुवाते खातीर पात्र उमेदवारांकडल्यान अर्ज मागयल्यात.

संशोधन वांगडी पदाखातीर उमेदवारा कडेन प्रकल्पाच्या संशोधन विशयात एम.ए वा NET/M. Phil./Ph.D. सयत कमीत कमी 55 टक्के गुणांसयत खंयच्याय समाजशास्त्रातली पात्रताय आनी दोन वर्सां संशोधनाचो अणभव आसपाक जाय. म्हयन्याक 47,000/- रूपया शिश्यवृत्ती पालव दितले.

संशोधन सहाय्यक पदाखातीर उमेदवारा कडेन प्रकल्पाच्या संशोधन विशयात पीएचडी/एमफील/पदव्युत्तर वा कमीत कमी 55 टक्के गुणांसयत खंयच्याय समाजशास्त्रातली पात्रताय आसपाक जाय. म्हयन्याक 37,000/- रूपया शिश्यवृत्ती पालव दितले.

फिल्ड इन्वेस्टिगेटर पदाखातीर कमीत कमी 55 टक्के गुणांसयत समाजशास्त्रातली पदव्युत्तर पात्रताय आसपाक जाय. म्हयन्याक 20,000/- रूपया शिश्यवृत्ती पालव दितले.

इत्सुक आनी पात्र उमेदवारांनी मुलाखती खातीर 31 जानेवारी 2025 दिसा सकाळी 10.00 वरांचेर समाजशास्त्र विभाग, डी. डी. कोसंबी समाजशास्त्र आनी वागणूक शास्त्र स्कुल, गोंय विद्यापीठ हांगा सीव्ही आनी प्रमाणपत्रां आनी दाखल्यां सयत उपस्थित रावचे. तशेंच इत्सूक आनी पात्र उमेदवारांनी आपलो अर्ज डॉ. अरविंद एन. हळदणकर (arvindhaldankar@unigoa.ac.in) हांका 29 जानेवारी 2025 सकाळी 11.30 मेरेन धाडचो.

म्हा /सप/ / विगां/ 2025/92

--

--------------------------------------------------------------------------------

Issued by the Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity,
Government of Goa,
Udyog Bhavan, Third Floor,
Near Azad Maidan,
Panaji – Goa.